Panaji National News

24.02,2026,6.30pm

**श्रीमती द्रौपदी**

राष्ट्राध्यक्ष श्रीमती द्रौपदी मुर्मू आयज दनपारां महाराष्ट्राक दोन दिसांच्या भेटी खातीर मुंबय पावली. मुंबयच्या छत्रपती शिवाजी महाराज आंतरराष्ट्रीय विमानतळार राज्यपाल आचार्य देवव्रत ,मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस, उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे हांणी येवकार दिलो.

**सी.पी.राधाकृष्णन**

अमेरिके-भारत रणनिती भागीदारी मंचान (यूएसआयएसपीएफ) नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या पर्यटन फुडारपण शिखर सभेच्या-2026 च्या उपाध्यक्ष सी.पी.राधाकृष्णन हांणी आयज उत्तावण केलें. ह्या सभाक संबोधीत करतना श्री राधाकृष्णन हांणी सांगलें, पर्यटन हो एक उद्देगा परस चड आसा आनी तो संस्कृताये मदलो पूल आनी अर्थीक संदांचे चालक. पर्यटन हें मृदु मुत्सद्देगिरीचें एक बळिश्ट साधन आनी भारत आनी अमेरिकेच्या अर्थीक मार्गांतलो एक मुखेल खांब अशें तांणी सांगलें. प्रवाशी अणभव, प्रामाणीकपण, टिकावूपण, संस्कृताय, दायज, निरोगीपण आनी अर्थपूर्ण जोडणी सोदतात अशें उपाध्यक्षान उत्तायलें.पर्यटन हो सगळयांत व्हडलो रोजगार दिवपी देश अशें श्री राधाकृष्णन हांणी सांगलें. पर्यटन क्षेत्राची समावेशी आनी टिकावू वाड सुनिश्चीत करपा खातीर कुशळटाय, उद्देजकता आनी बायलांच्या फुडारपणा खाला आशिल्ल्या उद्देगांत गुंतवणूक करपाचेर तांणी भर दिलो.

**सेवा तीर्थ**

सेवा तीर्थ हें संवेदनशील, जबाबदार आनी नागरिक केंद्रीत शासनाची जागतीक देख करपाची वचनबद्धताय केंद्रीय मंत्रीमंडळान आयज परतून सांगली. मंत्रीमंडळ बसके उपरांत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, आयज सेवा तीर्थांत मंत्रीमंडळाचे पयले बसकेंत घेतिल्ल्या सेवा संकल्प थारावांत मंत्रीमंडळान थारायलां की 2047 मेरेन भारताक एक समृध्द, सक्षम आनी आत्मनिर्भर राष्ट्र करपाच्या प्रवासांत ही परिकल्पना राश्ट्रीय आकांक्षांचें एक बळिश्ट केंद्र म्हूण काम करतली." सेवा तीर्थांत घेतिल्लो दरेक निर्णय 1.4 अब्ज नागरिकां कडेन सेवा दिवपाच्या भावनांतल्यान प्रेरीत जातलो आनी राष्ट्र निर्मितीच्या व्यापक ध्येया कडेन जोडटलो असो आपलो संकल्प परतून उत्तायलो. तशेंच ह्या परिसरांत घेतिल्लो दरेक निर्णय 'नाग्रिक देवो भाव' ह्या भावनेन प्रेरीत जातलो असो संकल्प परतून उत्तायला.

**हिम-कनेक्ट**

पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालय फाल्यां सावन नवी दिल्लींत उर्जा आनी संसाधन संस्थेच्या (टीईआरआय) संवसारीक टिकावू उदरगत शिखर सभेचो एक भाग म्हूण 'हिम-कनेक्ट' घडोवन हाडटलें. हिम-कनेक्ट हें भारतीय हिमालयन प्रदेशांत (आयएचआर) काम करपी संशोधकांक स्टार्टअप, गुंतवणूकदार आनी धोरण निर्मात्यां कडेन जोडून तांच्या संशोधन परिणामांचें प्रमाणीकरण आनी जमनीचेर उपेग करपाक सक्षम करपाचो हेतू आशिल्लो प्लॅटफॉर्म आसा. आयतारा सावन दोन दीस तो भोंवडेकारांक उक्तो आसतलो.

**भूपेंद्र यादव**

केंद्रीय पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव हांणी आयज दिल्ली-एनसीआरांत धुल्लमुक्त आनी टिकावू शारी रस्त्यां खातीर मानक चौकटी आनी रस्तो मालमत्ता वेवस्थापन प्रणाली चालीक लावपा खातीर चार समन्वय पत्रांचेर स्वाक्षरी करपाची अध्यक्षता केली. राष्ट्रीय राजधानी प्रदेश आनी लागसारच्या वाठारांनी हवेचो दर्जो वेवस्थापन आयोगान जारी केल्ल्या शारी रस्त्यांचेर फरसबंदी आनी पाचवीचार करपा खातीर मानक चौकटी प्रमाण हे एमओयू आसात. एनसीआरभर रस्त्यांचे क्रॉस-सेक्शन, राइट-ऑफ-वे वापर, पाचवीचार करपाचे उपाय आनी रस्त्याचे देखरेखीचे प्रोटोकॉल सुदारपाचो हेतू आसा.

उत्तरकाशीच्या नेहरू इन्स्टिट्यूट ऑफ माउंटेनरींग आनी पहलगाम हांगाच्या जवाहर इन्स्टिट्यूट ऑफ माउंटेनरींग अँड विंटर स्पोर्ट्स ह्या स वांगड्याच्या पंगडान आर्जेन्टिनांतल्या माउंट आकोन्कागुआ पर्वताचेर येसस्वीपणान पावलो. ह्या म्हयन्याचे 5 तारखेक संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान ह्या पंगडाक विधीपुर्वक ध्वज दिलो.आंतरराष्ट्रीय पर्वतारोहण मळार देशाची वाडत वचपी उंचाय आनी देशांतल्या मुखेल पर्वतारोहण संस्थांच्या संवसारीक दर्ज्याच्या प्रशिक्षण मानकांचेर हें कामगिरी स्पश्ट करता अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलें

**हवामान**

भारत हवामान खात्यान आयज सकाळीं पंजाबांत दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला. मजगतीं, आयज खातीर ओडिशा, गंगेटिक अस्तंत बंगाल, झारखंड हांचे वांगडाच अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा.हे परिस्थिती वांगडा गडगड, वीज आनी वारें वारें येतलें अशें आयएमडीन सांगलां. आसाम, मेघालय, सिक्किम, उपहिमालय अस्तंत बंगाल, छत्तीसगड, मध्य प्रदेश, तेलंगणा आनी विदर्भ ह्या दिसा खातीर अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा. हवामान एजन्सीच्या म्हणण्या प्रमाण बंगालच्या मध्य खाडीक लागीं आशिल्ल्या दक्षिणेच्या मध्य भागांचेर धुमशेणां येवपाची शक्यताय आसा.

**20 क्रिकेट**

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत आयज सांजवेळा श्रीलंकेच्या पल्लेकेले आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत गट 2 सुपर 8 मॅचींत इंग्लंड आनी पाकिस्ताना आड खेळटलो. मॅच सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातली.